आयज चेन्नयच्या आयआयटी-मद्रासांत जाल्ल्या कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पुराय तमिळनाडूंतल्या 13 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगतीच्या प्रकल्पांचें उक्तावण केलें आनी बुन्याद घातली. रस्तो आनी रेल्वे येरादारी, बंदर मुळावी बांदावळ, पेट्रोलियम आनी विज्ञानीक संशोधन ह्या प्रकल्पांचो हांतूंत आस्पाव आसा. ह्या वेळार तमिळनाडुचे मुख्यमंत्री सी. जोसेफ विजय हे लेगीत हाजीर आशिल्ले. ह्या प्रकल्पांनीं सुमार ३ हजार ७०० कोटी रुपया मोलाची राष्ट्रीय महामार्गांची कमां, चेन्नय बंदर, कामराजार बंदर आनी व्ही. ओ. चिदंबरनार बंदर हांगासरलो उपक्रम, तशेंच 'अमृत भारत स्टेशन येवजणे 'अंतर्गत रेल्वे स्थानकांच्या उदरगतीचो आसपाव आसा.

ह्या वेळार उलयतनमां प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

सभेक संबोधीत करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी तमिळनाडूंत 13 हजार कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचें उक्तावण इतिहासीक प्रसंग आशिल्ल्याचें वर्णन केलें. ह्या उपक्रमांक लागून जोडणी सुदारतली, उद्देग आनी वेपार घटमूट जातलो आनी राज्यांतल्या तरणाट्यांक रोजगाराची संद मेळटली. ह्या प्रकल्पांक लागून दिसपट्टो प्रवास करपाक सोंपें जातलें आनी राज्याचे अर्थीक वाडीक आदार मेळटलो अशें मोदी हांणी सांगलें.

हे विशीं प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

उदयाक येवपी आव्हानांचेर संवसार उपाय सोदता आनी भारतांतल्या तरणाट्यां कडेन ते उपाय दिवपाची प्रतिभा आनी तांक आसा असो विस्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायला. ते आयज सांजवेळा चेन्नयांतल्या जयगोपाल गारोडिया हिंदू विद्यालयाच्या भांगरा महोत्सवाच्या सुवाळ्यांत उलयताले.

विकसीत भारताची नदर साकार करपाक तरणाट्यांची म्हत्वाची भुमिका आसतली अशें श्री मोदी हांणी भर दिलो. भारत तरणाट्यांक उपाट संदी दिता आनी आपली

तांक साकार करून राष्ट्राच्या उदरगतींत योगदान दिवचें असो उलो ह्या वेळार प्रधानमंत्र्यांनी तरणाट्यांक मारलो.

तरणाट्यांनी तयार केल्ले अभिनव विचार आनी उपाय फकत भारताच्या फुडाराक न्हय तर संवसाराच्या फुडाराकुय आकार दितले अशें प्रधानमंत्र्यांनीं स्पश्ट केलें. सामुहीक यत्नांतल्यान देशाची आकांक्षा साध्य जावंक शकता असो तांणी उक्तायलो.

नेपाळांतल्या गोरखा जिल्ह्यांत बुढी गंडकी न्हंयक आयिल्ल्या अचकीत आयिल्ल्या हुंवारा खातीर डझनभर घरां आनी पूल व्हांवून गेले आनी जलविद्युत प्रकल्पांचे लुकसाण जालें.

हे घडणुके उपरांत ५० जणांची सुटका केल्या. आयज फांतोडेर चार वरांचेर आयिल्ल्या हुंवाराचो फटको चुमनुबरी ग्रामीण नगरपालिकेतल्या लोकांक बसला. हुवारांत १० जाण बेपत्ता जाल्यात मात जीवितहानी जाल्ल्याची खबर आजून मेरेन नां.

सोद आनी बचाव कार्या खातीर नेपाळ लष्कराचे जवान आनी हेर इतर सुरक्षा यंत्रणां तैनात केल्या जाल्यार कितलें लुकसाण जालां ताची म्हायती आजून मेळूंक ना.

चार हेलिकॉप्टरां आनी जमिनीवयलीं पथकां लोकांक सुरक्षित थळार हालोवपा खातीर मजत करता तशेंच प्रशासनान न्हंय देगेर रावपी नागरिकांक सुरक्षित जाग्यांचेर वचपाचें आवाहन केलां.

शांतिकायेन एकठांय जावपी लोकांक बेकायदेशीरपणांन ताब्यांत घेवचे ना आनी येरादारीचे नेंम पाळपी लोकांच्या मुक्त हालचालींक परवानगी दितले हाची खात्री करपाचे निर्देश सर्वोच्च न्यायालयान आयज संबंधित अधिकाऱ्यांक दिल्यात.

तशेंच, न्यायालयान दिल्लीतल्या बॅरिकेडिंगच्या वेवस्थेचो नियाळ घेवपाक सांगलां. कायदो आनी सुवेवस्थेची गरज लक्षात घेवन, मेट्रो सेवा सदच्या वेळापत्रका प्रमाण चलतली आनी इंटरनेट सेवा सुरू उरतले हाची खात्री करपाचो आदेश केंद्र सरकाराक दिला.

सध्याच्या कायदो-सुव्यवस्थेच्या परिस्थिती प्रमाण मेट्रो आनी रेल्वे सेवा सुरळीतपणामन सुरू आसूंक जाय अशें न्यायालयान म्हळां. तशेंच , वकिलांक तांची वेवसायिक कर्तव्यां पासून आडोवंक फावनां अशें निर्देश लेगीत न्यायालयान दिल्यात.

भारतीय हवामान विभागान मंगळारा मेरेन केरळम, माहे, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांनीं जोगलां ,गडगड आनी वादळां सयत पावसाचो अदमास उक्तायला.

आयज आंध्र प्रदेश, झारखंड, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, ओडिशा आनी अस्तंत राजस्थानाच्या वाठारांनीं अशीच हवामानाची स्थिती आसपाची शक्यताय आसा. तशेंच दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयांत लेगीत आयज उश्ण आनी दमट हवामानाची स्थिती आसतली अशें वेधशाळेन म्हळां.